# नूतनीकरण केल्ल्या फोंडा नगरपालिका ग्रंथालय आनी ई-वाचपघराचे उक्तावण

ता. 2 मार्च 2026

भांडवली गुंतवणूक 2023-24 खातीर राज्यांक खास मजत, ह्या येवजणे अंतर्गत नूतनीकरण केल्ल्या फोंडा नगरपालिकेच्या ग्रंथालय आनी ई-वाचनालयाचे उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत जाले. ग्रंथालयांनी आधुनिक सुविधां उपलब्ध करून ग्रंथालयांचो दर्जो सुदारप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. हो उपक्रम भौशीक ग्रंथालयांचे आधुनिकीकरण आनी शिक्षण संसाधनांची सुविधा सुदारपा खातीरच्या राज्य सरकारच्या वचनबद्धतेची देख आसा.

हो प्रकल्प भौतिक पायाभूत सुविधांनी सुदारणा करप, डिजिटल सुविधा सुरू करप आनी ज्ञान आनी शिक्षणाच्या प्लॅटफॉर्मार भौशीक प्रवेश वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रित करता. सरकारन गोंयांत 168 ग्रंथालयांचे आधुनिकीकरण करपाचे लक्ष दवरला आनी तातूंतल्या 20 ग्रंथालयांचे काम आदीच पूर्ण जाल्ले आसा. डिजिटल शिक्षणाच्या संदींक प्रोत्साहन दिवपा खातीर आनी ग्रामीण आनी शारी भागांमदले प्रवेश अंतर भरून काडपा खातीर केंद्र सरकारच्या मजतीन ई-वाचनालयाक सहकार्य करतात. वाचन संस्कृतीत सहभाग वाडोवपा खातीर ज्येश्ठ नागरिकांक लेगीत प्रोत्साहन दिवपाचे उपक्रम घेतात.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयच्या युगात प्रसंगोचीत रावपा खातीर आधुनिक ग्रंथालयांनी पारंपरिक वाचन संस्कृतीक डिजिटल प्लॅटफॉर्माची जोड दिवपाची गरज उक्तायली. तांणी विद्यार्थ्यांक गोंय लोकसेवा आयोग आनी केंद्रीय लोकसेवा आयोगाच्या स्पर्धा परीक्षांच्या तयारी खातीर ई-लायब्ररी सुविधांचो उपेग करपाक सांगले. मुख्यमंत्र्यान शिक्षण, कुशळटाय विकास आनी वाचन संस्कृती मदली गुंतवणूक ही 2047 मेरेनच्या विकसित भारताची बुन्याद आशिल्ल्याचें सांगून सुलभ ज्ञान सुविधांवरवीं मानवी विकासाक बळ मेळटा, अशें सांगलें.

कार्यक्रमाक फोंडा नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री वीरेंद्र ढवळीकर; कला आनी संस्कृती संचालक श्री विवेक नाईक; कला आनी संस्कृती खात्याचे सचीव श्री संतोष सुखदवे; आयटीजीसीचे वेवस्थापकीय संचालक श्री प्रवीण वळवयकर आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/155

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.